STORY

गरजेच्यो सेवा वेळेत आनी योग्य तरेन मेळपा खातीर खात्यांनी आधुनीक पद्दत आपणावची, अशें निर्देश मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी खात्यांच्या सचीवांक दिले. खात्यांचे सचीव, आयएएस तशेच आयपीएस अधिकाऱ्यांची मुखेलमंत्र्यांनी बसका घेतली.

गरजेच्या सेवां सूयत मुळाव्या सुविधांच्या प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो. मुळाव्या सुविधांचे प्रकल्प वेळेत पुराय जावपा खातीर नव्यो आनी योग्य पद्धती आपणांपाची गरज मुख्यमंत्र्यांनी उक्तायली. प्रकल्प पुराय जावपाक कळाव जालो, जाल्यार खर्च वाडटा. योग्य पद्धती कार्यवायेत हाडून येणावळ वाडोपाचेर खात्यांनी भर दिवचो, असो सल्लो ताणी दिलो.

केंद्र सरकाराच्या येवजणेंच्या कार्यवायेचो नियाळ बसकेत घेतलो. सरकारी कर्मचाऱ्यांमदी शिस्त निर्माण करपाचे यत्न जावपाक जाय. जनतेक वेळेत सेवा दिवपा खातीर थळावी कार्यालया घटमुट करपाचे निर्देश मुखेलमंत्र्यांनी सेनार दिले.

STORY

दोंगोर कापप आनी भराव घालपाच्या प्रकारांचेर नदर दवरुन अशे करप्यांचेर खर कारवाय करपाक सरकाराची यंत्रणा कार्यरत जाला. हे फांटभुयेंर तलाठ्यांक शेनवार, आनी आयतरा आनी हेर भौशिक सुटयेच्या दिसांनी अशे प्रकार खंय घडटा जाल्यार ताचेंर नदर दवरून पळोवणी करप तशेंच अहवाल दिवपाचो आदेश राज्य आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेन काडला.

सैमिक रित्या संवदेनशिल वाठारात अशें प्रकार घडुन येत जाल्यार कारवाय करपाची शिटकावणी ह्यानपयली मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ाहंणी दिला. गोंयांत पालसण कोसळपाक अशे बेकायदेशीरपणा जबाबदार आसता. ताका लागुन खाजगी वा हेर सुवातीनी संबंधित प्रकार घडचे न्ही म्हण सरकारान अशे करप्याचेंर कडक